Panaji National

26 November 2026

6.30 PM

PM and HM on Constitution Day

भारतीय संविधान दीसाच्या 77व्या वर्सांच्या निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सगल्या नागरिकांक परबीं दिल्यां. संविधानाच्या रुपान आमकां मेळिल्ली ही भेट भारतीय लोकशायेचो अमूल्य वारसो आसा अशें प्रधानमंत्र्यांनी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां आनी संविधानाची भावना तिगोवन दवरून 2047 मेरेन विकसीत भारत उबारपा खातीर एकठांय येवन वावुरचें आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नागरिकांक केलां. तशेंच संविधान दिसा निमतान घरमंत्री अमित शाहा हांणी नागरिकांक परबी दिल्या. दरेका नागरिकाक समान संदी आनी स्वाभिमानान जगपाचो अधिकार दिवपी संवसारांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या लोकशायेचो घटमूट खांबो म्हळ्यार भारताचें संविधान अशें तांणी म्हटलां. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 'संविधान दीस' मनोवपाची सुरवात करून घटनात्मक मुल्यां दरेका व्यक्ती मेरेन पावचीं हे खातीर पावलां उबारल्यांत अशें घरमंत्री शाहा हांणी नदरेक हाडलें.

26/11 Mumbai Attack

2008 वर्सांच्या 26/11 मुंबय आतंकवादी हल्ल्यांत जिव गेल्ल्या निरपराधी नागरीकांक आनी सर्वोच्च बलिदान दिवपी सुरक्षा कर्मचाऱ्यांक पुराय देशान आयज श्रद्धांजली दिली. लश्कर-ए-तैयबाच्या धा सशस्त्र आतंकवाद्यांनी मुंबयच्या वेगवेगळ्या सुवातींनी केल्ल्या हल्ल्याक आयज 18 वर्सां पुराय जाल्यात. हो त्याग आनी निस्वार्थ सेवा आमच्या राष्ट्राच्या आत्म्यांत सदां खातीर कोरांतून उरतली अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलें.

आतंकवादाक बळी पडलेलया कुटुंबा वांगडा देश उबो आसा अशें आश्वासन दिताना राष्ट्रपतींनी शांततायेन आनी मनीसपणान संवसाराचे दिकेन वावुरपाचो सामुहीक संकल्प उक्तायलो.

Rajnath Singh

विकसीत राष्ट्र आनी फुडारी जागतीक सत्ता म्हणून उदेंतेची भारताची आकांक्षा घटमूट जावची म्हूण लवचीक आनी तंत्रीक नदरेन प्रगत राश्ट्रीय सुरक्षा वेवस्थेक आदार दिवपाक जाय अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी सांगलें. राश्ट्राचें बळगें फकत ताच्या लश्करी क्षमतेक वा अर्थीक साधनसंपत्तीचेर न्हय, जाल्यार ताच्या संस्थांच्या दर्ज्याचेर, फुडारपणाची नदर आनी बदलत्या संवसाराक अनुकूल जावपाची ताची तांक हांचेरय आदारून आसता अशें नवी दिल्लींतल्या नॅशनल डिफेन्स कॉलेजीच्या अभ्यासक्रम निरोप सुवाळ्यांत उलयतना संरक्षणमंत्र्यांनी सांगलें..

IFFI Goa

गोंयान सुरु आशिल्ल्या 57व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचो आयज सातवो दिस. आयज इफ्फीन चित्रपट उद्देगांतल्या दिग्गजांक श्रद्धांजली ओपली, तशेंच मास्टरक्लास आनी खाशेले चित्रपट प्रदर्शन घडोवन हाडले. महोत्सवाच्या आयच्या सत्रांत दिवंगत अभिनेते नाना पाटेकर हांच्या प्रशंसीत 'दीक्षा' फिल्माचें 'हॉमेज' विभागा खाला खाशेलें प्रदर्शन करून त्यांच्या स्मृतिक आर्गा ओपली. आयज सकाळीं ऋषब शेट्टीचो बहुचर्चित कन्नड चित्रपट 'कांतारा: अ लेजेंड – चॅप्टर 1' हो आंतरराष्ट्रीय सर्तीच्या विभागांत दाखोवन ह्या चित्रपट महोत्सवान थळावी कथा कितली खोलायेन रुजल्ली आसूं येता आनी तीं चित्रपटाच्या माध्यमांतल्यान जागतीक प्रेक्षकां मेरेन कशीं पावूंक शकतात हाचेर भर दिलो. पणजेच्या कला अकादेमींत नामनेचे कास्टिंग दिग्दर्शक आनी फिल्म निर्माते मुकेश छाबरा हांणी आयज 'द कास्टिंग मॅजिक: ऑडिशन्स अनप्लग्ड' ह्या विशयाचेर मास्टरक्लास घेतलो.

Weather

भारतीय हवामान खात्यान फुडले दोन दीस दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब आनी हिमाचल प्रदेशांत दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला, तशेंच, फाल्यां मेरेन ओडिशा आनी ईशान्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी हवामानाची परिस्थिती अशीच उरपाची शक्यताय आसा. फाल्यां मेरेन केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा गडगड, वीज आनी वादळी वारें हांचे वांगडा व्हड पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला, जाल्यार आयज आंध्र प्रदेश आनी दक्षिण कर्नाटकांतय वीज पडपा वांगडा गडगड येवपाची शक्यताय आसा.

Sports

भारतीय बायलांच्या हॉकी पंगडान बायलांच्या आशियाई चॅम्पियन्स ट्रॉफींत आपलो प्रभावी जैताचो क्रम चालू दवरलो आनी उपांत्य फेरये आदीं भोपाळांत जाल्ल्या सर्तीन जपानाचेर 4-0 अशें गूंजपी जैत मेळयलें.